॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय ४ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ॥ फाटल्या दोन अध्यायांनी मंगलाचरण । सांगलें ग्रंथप्रयोजन । अधिकारी अनुबंध निरुपण । जालें विवरण पुराय ॥१॥ आतां ह्या संतांचो अवतार । कसल्या निमतान हे धरतरेर । अशें हें कसलें कार्य कुस्तार । जाणें आरंभलां ह्या भुलोकांत ॥२॥ आतां श्रोते म्हाराज । हांव एक तुमचो [१]चरणरज । मेळचें ध्यान कृपा होच [२]काज । मागपाक दिसना लज म्हाका ॥३॥ मुळांतूच गोड संतचरित्र । तातूंत हें साईकथामृत । पियेवन साईचे अनन्य भक्त । जावचे खुशालभरीत ॥४॥ ब्राह्मण धिक्कारतात आश्रम वर्ण । क्षुद्र जावंक पळयतात ब्राह्मण । धर्माचार्यांचो अपमान । पळयतात करूंक [३]दंडण ॥५॥ कोणूच मानिनात धर्मवचन । घराघरांत सगलेच विद्वान । एका फुडलो एक तज्ज्ञ । मानिना कोण कोणाचें ॥६॥ कितेंय खातात कितेंय पियेतात । आचार विचार सगले सोडल्यात । ब्राह्मण सगल्यां हुजीर खातात । सोरो मास प्रत्यक्ष ॥७॥ घेवन धर्माचें पांगरूण । अत्याचार चलयतात भितरल्यान । जातीधर्माचो अच्छेव कांडून । सतायतात ते लोकांक ॥८॥ ब्राह्मण वाजेतात [४]संध्यास्नानाक । धर्मनिश्ठ उबगतात अनुश्ठानाक । योगी वाजेतात जप तप ध्यानाक । संत अवताराचो वेळ तो ॥९॥ लोक धन मान अस्तुरी पूत । हातुंतूच सगलें मानतात सूख । परमार्थ विचारां कडेन घुंवडायतात मूख । संत अवताराक येतात तेन्ना ॥१०॥ आत्यंतीक सूख मेळोवपाक । धर्म दुर्बळटायेक लागून जे मुकतात । तेन्ना धर्मजागृताय करपाक । संत येतात अवताराक ॥११॥

१. पांयधूळ. २. कारण, मतलब. ३. ख्यास्त. ४. ब्राह्मणांनी त्रिकाळ करपाची उपासना.

आयुश्य भलायकी ऐश्वर्याक मुकतात । लोक कुडीच्या सुखाक वखवखतात । स्व उद्धाराक पूर्ण विसरतात । तेन्ना घेतात संत अवतार ॥१२॥ जावपाक जातीधर्माचें रक्षण । करपाक अधर्माचें निर्दालन । गरीब दुबळ्यांची करपाक राखण । येतात संत हे धरतरेर ॥१३॥ संत सगलें जाणटात । दीन उद्धारा खातीर धांवतात । दुसऱ्यां खातीर तांचो अवतार फकत । नासता सुवार्थ कसलोच ॥१४॥ मोक्ष वैराग्याची बुन्याद मारून । प्रवृत्तीची इमारत बांदून । परमार्थाचें बांदतात [1]आयतन । भक्तांक उद्धारतात सोंपेपणीं ॥१५॥ धर्मकार्य धर्मजागृताय करून । अवतार करतात संपादन । जातकूच आपली कार्यपरिपुर्ती । करतात समाप्ती अवताराची ॥१६॥ खोसयेन भरचो हो सकल संवसार । दरेकल्याचे कुडींत येवचो ईश्वर । तोच गुरू जो परमेश्वर । शंकर सूखकर तोच तो ॥१७॥ अद्वितीय जो प्रेमाक भुकेला । नित्य निरंतर अभेद उरला । देशकालवस्तुभेद जाचे ठांय सोंपला । सर्वव्यापी तो सर्वेश्वर ॥१८॥ परा पश्यंती मध्यमा वैखरी । थकल्यो सांगून वाणी चारी । 'नेति नेतीति' घेतली हारी । वेदांत धूर्तपण उपकारना ॥१९॥ लजलीं स शास्त्रां षडदर्शना । थकलीं पुराणां आनी किर्तनां । अखेरेक काया वाचा मना । थारलीं नमनाक साधनां हींच ॥२०॥ अशा ह्या संतसाईचें चरित्र । लिला जांच्यो भोव [2]विचित्र । आयकून तांच्यो कथा पवित्र । जावचें श्रोत्यांनो पावन तुमी ॥२१॥ तोच सकल इंद्रियांचो चालक । दिता बुद्दी ग्रंथ रचपाक । ज्युस्ताज्युस्त चरित्र सुचपाक । कश्टां बगर कारण तो ॥२२॥ तो सकलांच्या मनांतलें जाणपी । भायर भितर सगल्याक पावपी । मागीर हांव कोण हुसको धरपी । व्यर्थ भिरांत सगली ही ॥२३॥ एकेक गूण ताचे याद करतां । पडटा मनाक ताटस्थता । येतलीं जिबेर कशीं उतरां । दृढ मौनता ताचें कथन ॥२४॥ नाकान फूल हुंगचें । कातीक धगमोडें उदक लागचें । दोळ्यांनी सौंदर्यसूख घेवचें । सुखावचें आपआपणाक ॥२५॥ जिबेक साकरीची रूच । कळटा पूण येना वर्णूंक

१. देवूळ. २. आगळ्यो.

अचूक । साई गुणांचो अनुवाद तसोच । असमर्थ बिनचूक वर्णूंक हांव ॥२६॥ सद्‌गुरूच्याच येतलें मनांत जेन्ना । तोच उर्बा दितलो तेन्ना । अनिर्वचनियाच्या निरुपणा । घेता करून तो [1]स्वजना कडल्यान ॥२७॥ हो न्हय फकत शिश्टाचार । उतरां न्हय हीं फकत उपचार । मनोभावाचे हे उद्‌गार । ध्यान प्रार्थितां आदरान ॥२८॥ जें परीं गाणगापूर नृसिंहवाडी । औदुंबर वा भिल्लवाडी । तशेंच हें क्षेत्र प्रसिद्ध 'शिरडी' । देगेर पवित्र गोदावरीचे ॥२९॥ गोदावरीची पवित्र देग । गोदावरीचें पवित्र उदक । थंयचो शितळ वारो सांगाताक । हीं संवसार काळोख नाश करपी ॥३०॥ गोदावरीचें माहात्म्य रुचीक । संवसारभर तें नामनेक । तेजस्वी एका परस एक । संतश्रेश्ठ जाले थंय ॥३१॥ गोदावरींत संगम अनेक तिर्थांचो । वारी केल्यार जाता नाश पापांचो । न्हातकूच नाश संवसार दुख्खांचो । सांगलां पुराणांत अशें हें ॥३२॥ ही गोदा आसा अहमदनगरांत । कोपरगांव [2]तालुक्यांत । त्याच कोपरगांवाचे कुशींत । मार्ग वता थंयच्यान शिरडीचो ॥३३॥ गोदा हुंपून दुसरे देगेर । सुमार स मैल अंतराचेर । टांगो पावतकूच निमगांवा भितर । दिसता मुखार शिरडी ॥३४॥ निवृत्ती ज्ञानदेव मुक्ताबाई । नामा जनी गोरा गोणाई । तुका नरहरी नरसीभाई । मोगाळ कसाई सांवता ॥३५॥ आदीं संत जावन गेले । हालींच्या तेंपारूय बरेच जाले । अख्ख्या संवसाराचें करूंक भलें । आदार दीनदुबळ्यांचे ॥३६॥ रामदास [3]संतप्रवर । सोडून हो गोदातीर । प्रगटले कृष्णातिरार । करूंक कल्याण संवसाराचें ॥३७॥ तशेच हे साई योगेश्वर । शिरडीची पुण्याय थोर । करूंक जगाचो उद्धार । अवतरले देगेर गोदेचे ॥३८॥ परीस करता भांगर लोखंडाक । ताचे परसूय श्रेश्ठ मानतात संतांक । संतांची कृती भोव अलोकीक । भक्तांक निजरूप दितात ॥३९॥ सोडून सगलो भेदभाव । विश्व सगलें ब्रह्मभाव । आमचे खातीर हें विश्ववैभव । अखंड ऐश्वर्य ब्रह्माचें ॥४०॥ अशें पुराय विश्व जेन्ना । हांवूच हांव हें कळटलें तेन्ना । त्या सुखाचीं कितलीं सांगचीं

१. आपलीं मनशा. २. आतां शिरडी राहाता म्हालांत आसपावल्या. ३. श्रेश्ठ.

व्हडपणां । परम सद्भावाक पावतलो ॥४१॥ अशें मीपण जेन्ना पावचें । वैर तें कोणा वांगडा करचें । कोणाक आनी कित्याक भियेवचें । आनीक जागोच नासतलो जेन्ना ॥४२॥ दामाजी जशे मंगळवेढ्याक । समर्थ रामदास सज्जनगडाक । नृसिंहसरस्वती वाडीक । तशेच श्रीसाईनाथ शिरडीक ॥४३॥ परम [१]दुर्घट आनी [२]दुस्तर । जिखलो जाणें हो संवसार । शांती जाचो अलंकार । साक्षात भांडार गिन्यानाचें ॥४४॥ विष्णूभक्तांचें हें माहेरघर । उदारांचो हो उदार । परमार्थ–कर्णाचो अवतार । सारांचो सार हो श्रीसाई ॥४५॥ गोडी ना नाशवंतांत । रंगली वृत्ति आत्मस्वरुपांत । मोख एकूच परमप्राप्तींत । कितलें व्हडपण वर्णुचें तांचें ॥४६॥ ऐहिकाचो ना उत्कर्श [३]अपकर्श । आमुत्रिकाचो ना हर्श [४]अमर्श । अंतरंग निर्मळ जसो आदर्श । वाचा शिंवरता अमृत सदांच ॥४७॥ राजा भिकारी दळिद्री दीन । जाचे नदरेक सगले समान । नासता तांचे कडेन मान अपमान । भरला तो भगवंत चराचरांत ॥४८॥ लोकां वांगडा चलता उलयता । नाच चाळे कलवंतांचे पळयता । गजल गाणीं आयकत धोलता । तरीय हालना समाधेंतल्यान ॥४९॥ 'अल्ला' नामाची मुद्रा जाची । जग जागें तेन्ना न्हीद जाची । जग न्हिदता तेन्ना तंद्री लागची । पोट शांत दर्या भशेन ॥५०॥ आश्रम–[५]निश्चय कांयच कळना । मनाचो जाच्या थाव लागना । जरीय बसला थंयच्यान हालना । वेव्हार सगले जाणटा तो ॥५१॥ दरबाराचो भायलो झेत । गोश्टी सांगता तीनशीं साठ । असो जरी सदांचोच थाट । सांगिना गुपीत भितरलें ॥५२॥ वणटीक तेंकून उबो रावता । सकाळ दनपार भोंवडी करता । व्हाळाचेर वा चावडेर वता । आत्मस्थिती अखंड ॥५३॥ खंयच्या जल्मांत खंयच्या वेळार । केल्ल्या म्हज्या पुण्याच्या बळग्यार । करून साईन म्हजेर हे उपकार । घेतलें बरोवन चरीत आपलें ॥५४॥ हें कितें म्हणचें तपाचें फळ । तरी हांव जल्माचो [६]खल । साईच स्वता दीनवत्सल । कृपा तांची ही खात्रीन ॥५५॥ परब्रह्मस्वरुपांत जरी जनन । साधका सारकें ताचें वर्तन ।

१. कश्टान घडून येवपी. २. कठीण. ३. सत्यानाश. ४. मत्सर, द्वेश. ५. ब्रह्मचर्याच्यो अवस्था. ६. दुश्ट.

वृत्ती अहंकार सोडून अतीलीन । राखता मन ते सकलांचें ॥५६॥ नाथां खातीर जशें पैठण । ज्ञानदेवा खातीर आळंदी जाण । तशेंच साईन शिरडी स्थान । केलें म्हयमासंपन्न पळयात ॥५७॥ धन्य ते शिरडीचे फातर तण । दीसपट्टे जांकां कश्टांवीण । घडलें बाबांचें चरण दर्शन । लागले मस्तकाक पांय तांच्या ॥५८॥ शिरडीच आमकां पंढरपूर । शिरडीच जगन्नाथ द्वारकानगर । शिरडीच गया काशीविश्वेश्वर । रामेश्वरूय आमकां शिरडीच ॥५९॥ शिरडीच आमकां बद्रिकेदार । शिरडीच नाशिक त्र्यंबकेश्वर । शिरडीच उज्जयिनी महाकाळेश्वर । महाबळेश्वर गोकर्णूय शिरडीच ॥६०॥ साईंचो राबितो शिरडी भितर । तीच आमचे खातीर आरंभ–अखेर । तीच शांती सकल संवसार । भोव सुगम परमार्थ ॥६१॥ समर्थ साईंचें जें दर्शन । तातुंतूच आमकां योगसाधन । उलयल्यार पसून तांचे कडेन । जाता नाश पापांचो ॥६२॥ तांचे चरण [१]संवाहन । तेंच आमकां त्रिवेणीचें न्हाण । तांच्या चरणांचें तीर्थ [२]सेवन । हेंच निर्मुलन वासनांचें ॥६३॥ तांचें जें आज्ञापन । तेंच आमकां वेदवचन । तांच्या उदी प्रसादाचें सेवन । पुण्यपावन सर्वार्थान ॥६४॥ साईच आमकां परब्रह्म । साईच आमचो परमार्थ परम । साईच श्रीकृष्ण श्रीराम । स्वताच आराम श्रीसाई ॥६५॥ साई स्वता द्वंद्वातीत । केन्नाच ना निरशेल्ले वा खुशालभरीत । सदांच आपल्या स्वरुपांत स्थीत । ब्रह्म स्थितींत सदांकाळ ॥६६॥ शिरडी फकत केंद्रस्थान । वाठार बाबांचो भोव [३]विस्तीर्ण । पंजाब कलकत्ता हिंदुस्थान । गुजरात [४]दख्खन कानडा ॥६७॥ शिरडीची साईची समाधी । तीच अखील संतांची मांदी । थंयची वाट चलतना [५]प्रतिपदीं । तुट्टा गांठ जिवाची ॥६८॥ सार्थक जल्माक आयिल्ल्याचें । फकत घेतल्यार दर्शन समाधेचें । मागीर सेवेक आयुश्य ओंपप्यांचें । भाग्य थोर कितलें आसतलें ॥६९॥ मशीद आनी वाडो हांचेर । सोबीत घुडयो रांकेन तांचेर । मळबांत उबताल्यो उंचायेर । तश्योच सोबताल्यो हातांत भक्तांच्या ॥७०॥ बाबा नामनेचे साधू श्रेश्ठ ।

१. पांय चेपप. २. पियेवप. ३. पसरिल्लो. ४. दक्षिण हिंदुस्थान. ५. दर पावलाक.

गांवागांवांत पावली तांची कीर्त । कोण श्रद्धेन आंगवण करीत । कोण जाताले धादोशी दर्शनानूच ॥७१॥ कोणाचें कशेंय मनोगत । आसूं बुद्दी शुद्ध वा कुश्चित्र । दर्शनानूच जाता नितळ चित्त । लोक मनांत अजापताले ॥७२॥ पंढरींत विठ्ठल रखुमाई । तांच्या दर्शनांत जी नवलाई । तेंच विठ्ठल दर्शन बाबा साई । दिताले प्रत्यक्ष शिरडींत ॥७३॥ कोणाकूय दिसल्यार ही अतिशयोक्ती । आयकुची गौळीबुवांची उक्ती । जांकां विठ्ठलाची दृढ भक्ती । पयस जातलो दुबाव ॥७४॥ पंढरीचे हे वारकरी । जशी वर्सांतल्यान पंढरीची फेरी । तशीच करताले शिरडीची वारी । प्रेम उपाट श्रीसाईंचें ॥७५॥ गाढव एक वांगडाक । शिश्य एक सांगाताक । जिबेर 'रामकृष्णहरी' फकत । घोळटालें सेगीत गौळीबुवांचे ॥७६॥ पंच्याण्णव वर्सांची [१]उमर । चार म्हयने गंगेचे देगेर । रावप आठ म्हयने पंढरपूर । भेट वर्साक बाबांची ॥७७॥ पळयत पळयत बाबां कडेन । म्हणचें तांणी नमळायेन । साक्षात पंढरीनाथाचें दर्शन । घडलें पळयतकूच ह्या दयाळाक ॥७८॥ रेशमी धोतरां न्हेसले म्हणून । जातले व्हय संत कोण । कश्टांनी हाडांचे मणी करून । करचें पडटा उदक रक्ताचें ॥७९॥ सहज कसो जातलो देव । होच तो प्रत्यक्ष पंढरीराव । जग पिशें रे पिशें हो दृढ भाव । दवरून देव पळोवचो ॥८०॥ जाका पंढरीनाथाची भक्ती । अशा भगवद् भक्ताची ही [२]उक्ती । ताची श्रोत्यांनीच घेवची प्रचिती । म्हजो पामराचो अणभव तो कितलो ॥८१॥ व्हड गोडी नामस्मरणांत । ''अल्ला-मालिक'' अखंड मुखांत । दीसरात स्वताचे हजेरेंत । घेताले करून नामसप्ता ॥८२॥ आज्ञा एकदां दासगणूक । केली नामसप्ता करपाक । ताचेर दासगणू म्हणीत बाबांक । प्रगटूंक जाय श्रीविठ्ठल ॥८३॥ बाबांनी तेन्ना लावन हात हड्ड्याक । ठामपणान सांगलें दासगणूंक । ''हय, विठ्ठल खात्रीन प्रगटपाक । भक्त भावार्थी आसूंक जाय ॥८४॥ डाकुरनाथाची डंकपुरी । वा विठ्ठलरायाची पंढरी । ती हीच रणछोड द्वारकानगरी । वच्चें पडना

१. पिराय. २. वाक्य.

पयस पळोवपाक ॥८५॥ विठ्ठल कितें एकांतांतल्यान उठून । येतलो व्हय दुसरो खंयच्यान । भक्तप्रेमाचे उमळशिकेन । हांगाय प्रगटून रावतलो ॥८६॥ पुंडलिकान पालकांची सेवा । करून भुलयलो देवाधिदेवा । पुंडलिकाच्या त्या भक्तीभावा । रावलो उबो विटेचेर'' ॥८७॥ जातकूच सप्ताची समाप्ती अशे तरेन । दासगणूक त्या श्रीविठ्ठलान । शिरडींतूच दिलें म्हणटात दर्शन । घेयात प्रचिती ही बाबांची ॥८८॥ एकदां काकासाहेब दीक्षित । फांतोडेर न्हावन धुवन उपरांत । बशिल्ले आसतना ध्यानस्त । जालें दर्शन श्रीविठ्ठलाचें ॥८९॥ उपरांत जेन्ना दर्शनाक वचत । अजापान तेन्ना बाबा विचारीत । ''जालो मरे फळादीक तुजो हेत । घडली मरे भेट श्रीविठ्ठलाची? ॥९०॥ सामको पळपुटो तुजो तो विठ्ठल । खुंटी मारून कर ताका घट । नाजाल्यार चुकोवन नदर अचकीत । खिणांत नाच्च जातलो'' ॥९१॥ हो जालो फांतोडेचो प्रकार । मुखार जाली जेन्ना दनपार । परतूय घडलो असोच चमत्कार । जालो श्रीविठ्ठलदर्शन सुवाळो ॥९२॥ पंढरपूरच्या श्रीविठ्ठलाचे । पांचपंचवीस घेवन फोटे । कोण एकलो घेवन ते वाटे । आयिल्लो विकपा खातीर ॥९३॥ सकाळीं पळयिल्ली जी मुर्ती ध्यानांत । आसली एक तशीच ज्युस्त । पळोवन अजापलो दीक्षित । याद जाली उतरांची श्रीसाईंच्या ॥९४॥ दीक्षितान तेन्ना भोव प्रेमान । विकप्याक योग्य मोल दिवन । फोटू तो विकत घेवन । लायलो पुजेक श्रद्धेन ॥९५॥ साईंचो आदर विठ्ठलपुजनांत । आनीक एक कथानक सोबीत । श्रोत्यांनो भक्तीभावान आयकात । जावन उर्बेभरीत मनांत ॥९६॥ भगवंतराव क्षीरसागर । बापूय विठ्ठलभक्त प्रवर । पंढरपूराची वयलेवयर । वारी करीत आसतालो ॥९७॥ विठ्ठलमुर्ती आसली घरांत । बापायच्या मरणा उपरांत । पडले बंद पुजापाठ । श्राद्धतिथीय उरल्यो करपाच्यो ॥९८॥ वारयेचोय विसर पडलो । भगवंतराव शिरडीक आयलो । बाबांनी बापायचो उगडास केलो । म्हणलें ''इश्ट तो आसलो म्हजोच ॥९९॥ त्या म्हज्या

इश्टाचो हो पूत । म्हणुनूच हाडलो हाका ओडीत । ना केन्ना हो निवेद्य करीत । दवरता उपाशीं म्हाकाय ॥१००॥ विठ्ठलाकूय उपाशीं दवरता म्हणून । हाडलो हाका शिरडींत ओडून । याद ताका आतां दितां करून । पुजा पाठ करपाची'' ॥१०१॥ एकदां खासा पर्वा निमतान । करचें प्रयागतिर्थार न्हाण । दिसलें दासगणूंक मनांतल्यान । आयलो विचारपाक बाबांक ॥१०२॥ बाबांनी तेन्ना सांगलें ताका । वचपाची गरज ना पयस तुका । प्रयागतीर्थ दाखयतां हांगाच तुका । धर विस्वास मनांत ठाम ॥१०३॥ आनी खरोच घडलो अजापीत प्रकार । माथें जेन्ना दवरलें चरणांचेर । पांयां पोंदच्यान अचकीत वयर । आयलें उदक गंगा यमुनेचें ॥१०४॥ पळोवन तो चमत्कार । दोळ्यांक फुटलो पाजर । केदे व्हड हे बाबांचे उपकार । आयलो उमाळो दासगणूंक ॥१०५॥ चडलें जिबेक स्फुरण । आयलें प्रेम उचांबळून । अगाध शक्ती अघटीत लिला वर्णन । करून जाले धादोशी ॥१०६॥ दासगणूंचें पद हें गोड । तातूंत बाबांची तोखणाय व्हड । म्हणून त्या प्रेमळ पदाची जोड । दिवन ही इत्सा करतां पूर्ण ॥१०७॥

(पद)

अगाध शक्ति अघटित लीला तव सद्गुरूराया । जडजीवातें भविं ताराया तूं नौका सदया ॥धृ॥
वेणीमाधव आपण होऊनी प्रयाग पद केलें । गंगा यमुना द्वय अंगुष्ठीं प्रवाह दाखविले ॥१॥
कमलोद्भव कमलावर शिवहर त्रिगुणात्मक मूर्ती । तूंचि होउनी साईसमर्था विचरसि भूवरती ॥२॥
प्रहर दिसाला ब्रह्मासम तें ज्ञान मुखें वदसी । तमोगुणाला धरुनि रुद्ररूप कधीं कधीं दाखविसी ॥३॥
कधीं कधीं श्रीकृष्णासम त्या बाललीला करिसी । भक्तमनासी सरस करुनी मराळ तूं बनसी ॥४॥
यवन म्हणावे तरी ठेविसी गंधावर प्रेमा । हिंदू म्हणूं तरी सदैव वससी मशिदींत सुखधामा ॥५॥

धनिक म्हणावे जरी तुला तरी भिक्षाटण करिसी । फकीर म्हणावें तरी कुबेरा दानें लाजविसी ॥६॥
[1]तवौकसातें मशिद म्हणूं तरी वन्ही ते ठाया । धुनींत सदा प्रज्वलित राहे उदी लोकां द्याया ॥७॥
सकाळपासुनि भक्त साबडे पूजन तव करिती । माध्यान्हीला दिनकर येतां होत असे आरती ॥८॥
चहुं बाजूंना पार्षदगणसम भक्त उभे राहती । चौरि चामरें करीं धरूनि तुजवरी ढाळीती ॥९॥
शिंग कड्याळें सूर सनय्या दणदणते घंटा । चोपदार ललकारति द्वारीं घालुनियां पट्टा ॥१०॥
आरतिसमयीं दिव्यासनिं तूं कमलावर दिससी । प्रदोषकाळी बसुनि धुनीपुढें मदनदहन होसी ॥११॥
अशा लीला त्या त्रयदेवांच्या प्रत्यहिं तव ठायीं । प्रचितीस येताती अमुच्या हे बाबा साई ॥१२॥
ऐसे असतां उगीच मन्मन भटकत हें फिरतें । आतां विनंती हीच तुला बा स्थिर करीं त्यातें ॥१३॥
अधमाधम मी महापातकी शरण तुझ्या पाया । आलों निवारा दासगणूचे त्रिताप गुरुराया ॥१४॥

आसूं, भिरांकूळ पापां धुवपाक । गंगा देगेर वतात लोक । गंगा संतचरणांक येता स्पर्शूंक । धुवपाक पापां आपलीं ॥१०८॥ सोडून हे पवित्र चरण । वचूं नाका गंगा गोदेक शरण । करात भक्तीभावान पारायण । गोड चरित्राचें साईंच्या ॥१०९॥ जशे गोणाईक भीमरथींत । तमालाक भागीरथींत । नामदेव कबीराक शिंपलेंत । मेळळे नशिबानूच ॥११०॥ तशेच हे श्रीसाईनाथ । तरणे सोळा वर्सांचे पिरायेंत । निंबा पोंदा शिरडी गांवांत । प्रगटले पयले फावटीं भक्तां खातीर ॥१११॥ प्रगटनाच ब्रह्मज्ञानी । नासली विशयवासना सपनीं । मायेक मस्तिली खोंटांनी । मुक्ती तल्लीन चरणां कडेन ॥११२॥ जल्म बाबांचो खंयच्या देशांत । वा खंयच्या पवित्र वंशांत ।

१. तुज्या घराक.

खंयच्या मातापित्याच्या कुसव्यांत । हें कोणाकूच ना खबर ॥११३॥ खबर ना कोणाक फाटभूंय । कोण बापूय कोण तांची आवय । लागलोना पत्तो अजूनय । थकले लोक विचारून ॥११४॥ आवयबापूय घरच्यांक सोडून । सोयरीं जातपात पयस करून । सकल संवसारजात त्यागून । पावलो शिरडींत लोककल्याणाक ॥११५॥ शिरडींत एक जाणटी बाई । नाना [१]चोपदाराची आई । सांगली तिणें परम नवलाई । बाबा साईचरिताची ॥११६॥ म्हणलें सुरवातीक हो तरणाटो । रुपेस्त आनी गोरो गोमटो । निंबा पोंदा ध्यानस्थ एकटो । पडलो दिश्टी बशिल्लो ॥११७॥ पळोवन सोबीत बाळरूप । लोकांक दिसलें अप्रूप । तरणे पिरायेर अशे खर तप । परिणाम ना शिंया वताचो ॥११८॥ तरणी पिराय अप्रूप ते स्थितींत । ग्रामस्थ सगले अजापभरीत । गर्दी लोकांची रावली वाडत । घेवंक दर्शन ते बालमुर्तीचें ॥११९॥ दिसाचो नासलो कोणाचो सांगात । रातचीय नासली कोणाची भिरांत । खंयच्यान ही बालमुर्ती येत । अजाप मनांत सगल्यांच्या ॥१२०॥ पळोवंक रूप तें सोबीत । प्रेमाचे उमाळे काळजांत । वचनासलो कोणाच्या घरांत वा दारांत । निंबा पोंदां कायम ॥१२१॥ दरेकलो मनांत अजापतालो । असो कसो तरी हो भुरगो आसतलो । इतलो राजबिंडो दिसतालो । तरीय दीसरात उकताडार ॥१२२॥ भायल्यान दिसतालो पोर । तरीय कृतीन व्हडां व्हडां परस थोर । वैराग्याचो पुर्णावतार । अजाप ताचें सगल्यांक ॥१२३॥ प्रकार अजापीत एकदां घडलो । चौगांचेर खंडोबाचो भार आयलो । लोक भरपूर एकठांय जालो । लागलो विचारूंक प्रस्न एकेकलो ॥१२४॥ कोणा सभाग्याचो हो पूत । खंयच्यान कसो हांगा मेरेन येत । देवा खंडोबा तूं तरी घे सोद । प्रस्न विचारलो एकल्यान ॥१२५॥ देवान सांगलें चलात । खोरें पिकास हाडात । सांगतां थंय खणात । कळटली सुवात ताची तुमकां ॥१२६॥ मागीर थंय गांवचे शिमे लागींच । एका निंबाच्या मुळसांतूच । पिकासाचेर पिकास मारतकूच ।

१. रुपें भांगर आशिल्लो खाशेलो दांडो हातांत धरून राजाच्या मुखार चलपी.

पडल्यो विटो नदरेक ॥१२७॥ खणून पुराय जातकूच । जागो नितळ करतकूच । दिसलें एक भुंयार थंयच । दिवल्यो भितर चार पेट्टाल्यो ॥१२८॥ चुन्यान बांदिल्लें तळघर । गोमुखी पाट माळ सुंदर । देवान सांगलें बारा वर्सां हो पोर । तप हांगा करतालो ॥१२९॥ लोक जाले अजापभरीत । सुटले प्रस्न विचारीत । पोरानूय तांकां घोळकायत । सांगली कथा भलतीच ॥१३०॥ म्हणलें हें थळ म्हज्या गुरूचें । पवित्र बेंस म्हज्या कुळाचें । आसा तशेंच तुमी सांबाळचें । आयकात म्हजें हें सांगणें ॥१३१॥ बाबांनी अशें सांगलें । आयकुप्यांनी आयकून घेतलें । पूण बाबांनी तें सांगलें भलतें । अशी जीब ही घुंवता कित्याक ॥१३२॥ अजाप दिसलें म्हजे म्हाकाच । बाबां विशीं कसलो हो समज । पूण ताचो आतां जालो उमज । आसत केल्लीं फकांडां ॥१३३॥ बाबा फकांडेर मूळचे । आसतूय भुंयार तें घर तांचें । पूण सांगून थळ म्हणून गुरूचें । म्हत्व ताचें वाडयलें ॥१३४॥ आसूं, बाबांचे आज्ञे वयल्यान । आदलेच वरी विटो दवरून । भुंयार उडयलें बंद करून । निजगुरू स्थान म्हणून तें ॥१३५॥ जसो पिपळ वा औदुंबर । तसोच तो निंब बाबां खातीर । प्रेम भोव त्या रुखाचेर । आदर उपाट ताचे विशीं ॥१३६॥ म्हाळसापती सारके मानेस्त । शिरडीचे ज्येश्ठ ग्रामस्थ । बाबांच्या गुरूंची ही समाधी सुवात । म्हणून पडत पांयां थंय ॥१३७॥ ते समाधेच कडेन । बारा वर्सां पाळून मौन । तपश्चर्या केली बाबान । लोक सगले हें जाणटात ॥१३८॥ समाधे आनी निंबा सयत । विकती घेवन भोंवतणची सुवात । साठे नांवाचो बाबांचो भक्त । बांदली ताणें इमारत ॥१३९॥ होच वाडो हीच इमारत । भावीक सगले हांगा जमत । आयिल्ल्यां गेल्ल्यांची सुवात । जमताली गर्दी हांगाच ॥१४०॥ साठ्यान बांदलो निंबाक पार । मूख केलें दक्षिणोत्तर । उत्तरेचीं सोंपणां तयार । करून हें भुंयार दाखयलें ॥१४१॥ सोंपणां पोंदाक दक्षिणाभिमूख । कोनसो आसा एक सोबीत । थंयच पाऱ्याचेर करून मूख । भक्त बसतात

फुड्यांत ॥१४२॥ ''बिरेस्तार आनी शुक्रार । घालून [1]वरी सांजवेळार । ऊद पेटयतलो जो खीणभर । दितलो श्रीहरी सूख ताका'' ॥१४३॥ ही अतिशयोक्ती काय सत । दुबाव येवये आयकुप्यांच्या मनांत । पूण हीं साईमुखांतलीं उतरां आसात । आयकलीं तशींच सांगलीं ॥१४४॥ न्हय हें म्हज्या पदरचें विधान । धरूं नाकात दुबाव मात्सो पसून । आयकलां हें जाणीं अशे जायते जाण । पळयल्यात प्रत्यक्ष हांवेन ॥१४५॥ फुडें जालो वाडो दीक्षितांचो । भाविकांक थारलो भोव उपेगाचो । थोड्या तेंपान जागो ताचो । घेतलो प्रशस्त इमारतीन ॥१४६॥ दीक्षित आदींच पुण्यवंत । जशी भावार्थाचीच मूर्त । आंग्लभुंयेचे यात्रेक वचत । थंयूय रोयलें बीज आपलें ॥१४७॥ हांगा श्रोते भरतले दुबावान । द्वारका मथुरा काशी सोडून । धर्मा भायले ते भुंयेंत वचून । सादलो कसलो परमार्थ तांणी ॥१४८॥ श्रोत्यांक हो दुबाव साहजीक । पयसावतलो तेन्ना दिसतलें कवतूक । विशयांतर घडटलें [2]अल्पक । धरतां आस माफीची ॥१४९॥ काशी प्रयाग बदरीकेदार । मथुरा वृंदावन द्वारकापूर । ह्या तिर्थांचें पुण्य थोर । आसलें पदरांत तांच्या आदींच ॥१५०॥ ते भायर बापायची पुण्याय । धन्य भाग्याची अपुर्वाय । सगले पूर्वपुण्यायेची भरपाय । जालें दर्शन श्रीसाईंचें ॥१५१॥ ह्या दर्शना आदीकारण । नशिबांत तांच्या लंगडेपण । आंग्लभुंयेंत आसतना जाण । निसरून पडिल्ल्यान आयलें ॥१५२॥ दिसलो जरी हो वायट योग । तरी परिणामान गुरूपुष्ययोग । तातूंतल्यान घडलो सद्उद्येग । आगळो संयोग श्रीसाईंचो ॥१५३॥ चांदोरकरांची भेट घडली । कीर्त साईंची कानार पडली । सासाय दर्शनाची घेवंक सांगली । वतलें म्हणलें लंगडेपण रोखडेंच ॥१५४॥ मात हें लंगडेपण पांयांचें । दिसलेंना दिक्षिताक उणेपणाचें । खरें लंगडेपण तें मनाचें । घालोवंक सांगलें श्रीसाईंक ॥१५५॥ कात रगत मास हाडांचो । सांगाडो हो

१. एक कड्डण. २. मातशें.

मनीसकुडीचो । खीणयाळो हो संवसारगाडो । उरूं उरल्यार पांय लंगडो ॥१५६॥ एकुणीसशें णव वर्साक । नोव्हेंबराचे दोन तारखेक । पुण्यपावन तें दीक्षितांक । घडलें दर्शन श्रीसाईंचें ॥१५७॥ उपरांत ते त्याच वर्सात । दुसरे फावट डिसेंबरांत । गेले दर्शनाक शिरडींत । दिसलें रावचें कायम थंयसरूच ॥१५८॥ घेवचे पंचवीस शॅर । बांदचें पत्र्यांचें एक घर । यात्रेकरांकूय जातलो आदार । आदीं विचार हो आयलो ॥१५९॥ मुखार विचार आयलो मनांत । बांदची एक इमारत । निश्चेव मनाचो ठाम करीत । बसयलो फातर बुन्यादीचो ॥१६०॥ णव डिसेंबर दीस थारावन । ताका बाबांची मान्यताय मेळोवन । तोच म्हूर्त योग्य मानून । घाली बुन्याद इमारतीची ॥१६१॥ येवचो नासलो आपयल्यार पसून । तो दीक्षितांचो भाव कसो करून । राविल्लो आदींच थंय येवन । त्या दिसा त्याच म्हुर्तार ॥१६२॥ दादासाहेब खापर्डे श्रीमान । आदींच आयिल्ले ताकतिकेन । घरा वचूंक आज्ञा बाबां कडेन । पूण अनमनपाक लागले मागपाक ॥१६३॥ मात खापर्ड्यांक घरा वचपाक । दीक्षितांक बुन्याद घालपाक । जाली आज्ञा त्या दोगांयक । धा डिसेंबर ह्याच दिसा ॥१६४॥ आनीक ह्या दिसाचें म्हानपण । चावडेवयली ती शेजारती जाण । सुरू केली ह्याच दिसाच्यान । परम भक्तीभावान ॥१६५॥ वर्स एकुणीसशें इकरा मुखार । रामनमीच्या शूभ म्हुर्तार । घरप्रवेशाचे संस्कार । विधीपूर्वक आटापले ॥१६६॥ फुडें श्रीमंत बुट्टींच्या घराचो । केलो वाडो आकांताचो । देह पसून दवरलो थंयच बाबांचो । लागलो सार्थकीं पयसो खर्चिल्लो ॥१६७॥ जंय आदीं नासलो एकूय । वाडे तीन जाल्ले थंय । पयलो वाडो साठ्यांचो खंय । भोव उपेगी पडिल्लो समेस्तांक ॥१६८॥ खाशेलपण ह्या वाड्याचें आनीक । ताचेच सुवातेर आदीं सुरवातीक । आशिल्लें फुलझाडांचें पोरसूं एक । स्वता बाबांनी केल्लें तयार ॥१६९॥ पोरसाची त्या कथा सुपुल्ली । अध्यायांत फुडल्या येतली । हेमाड दवरता आपली तकली । साईचरणीं श्रोत्यां वांगडा ॥१७०॥

वामन, तात्या कळसुल्यो हाडटाले । साई समर्थ उदक शिंपताले । पडींगं जमनींत बाग फुलयताले । नाच्च जाले ते मुखार ॥१७१॥ फुडें औरंगाबाद शारांत । चांद पाटीलाची तांकां घडली भेट । लग्नाचे एके वराती सांगातांत । आयले शिरडींत परत ॥१७२॥ फुडें देविदासाची भेट घडली । जानकीदासाचीय गांठ पडली । गंगागीरांची नदरानदर जाली । मेळळें त्रिकूट शिरडींत ॥१७३॥ मोहिद्दीना वांगडा कुस्ती । थंयच्यान मागीर मशिदींत [१]वसती । डेंगळ्यांचेरूय बसली प्रिती । मेळळे भक्त भोंवतणीं ॥१७४॥ ह्या सगल्यांचें कथन । जातलें फुडल्या अध्यायांतल्यान । आतां हेमाड साईक शरण । घालता लोटांगण भावार्थान ॥१७५॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । 'श्रीसाईबाबांचें शिरडींत आगमन' नांवाचो हो चवथो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍

१. राबितो.